Panaji National 18th March 2026 8.40am

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी काल  संयुक्त अरब अमिरातीचे राष्ट्राध्यक्ष शेख मोहम्मद बिन झायेद अल नहयान हांचे कडेन दूरध्वनी वेल्यान  संवाद सादलो.
- संसदेन विनियोग विधेयक 2026 संमत केलो.
- तृणमूल काँग्रेसीन अस्तंत बंगाल विधानसभा वेंचणुके खातीर 291 उमेदवारांची वळेरी केली जाहीर; मुख्यमंत्री ममता बॅनर्जी भाबनीपूरांतल्यान वेंचणूक ल्ड्यतल्यो; केरळ विधानसभा वेंचणुके खातीर काँग्रेसीन 55 उमेदवारांचीं नांवां जाहीर केलीं, जाल्यार आम आदमी पक्षान 21 उमेदवारांची घोशणा केली.
- आखाती वाठारांतले सगळे भारतीय खलाशी आनी जहाज सुरक्षीत आसात अशें सरकारान सांगलें.
- अस्तंत आशियांतलो संघर्श आनीक वाडला
- अमेरिकेच्या राश्ट्रीय आतंकवाद विरोधी केंद्राचो मुखेली जो केंट हाणें  इराण युद्धाच्या विरोधात आपल्या पदाचो राजीनामो दिला.

PM UAE –

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी काल  संयुक्त अरब अमिरातीचे राष्ट्राध्यक्ष शेख मोहम्मद बिन झायेद अल नहयान हांचे कडेन दूरध्वनी वेल्यान  संवाद सादलो. अस्तंत आशियांतल्या सध्याच्या परिस्थितीचेर दोनूय फुडाऱ्यांनी भासाभास केली.  होर्मुज सामुद्रधुनींत सुरक्षीत आनी अखंड वाहतूक सुनिश्चीत करपाच्या महत्त्वाचेर दोनूय बाजूंनी सहमती दाखयली.

RS –

संसदेंत विनियोग विधेयक, 2026 संमत जालां. हजेर चर्चा जाल्या उपरांत, राज्यसभेन हे विधेयक लोकसभेकडे परत धाडले.लोकसभेन विनियोग विधेयकाक पयलींच मान्यताय दिल्या.

हे विधेयक आर्थिक वर्ष २०२५-२६च्या सेवां खातीर भारताच्या एकत्रीत निधींतल्यान कांय अतिरिक्त रक्कम फारीक करपाक आनी विनियोगाक अधिकृत करता.

राज्यसभेंत जाल्ले चर्चेक जाप दितना अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी अर्थीक स्थिरीकरण निधी खातीर केंद्र 57,381.84 कोटी रुपया दिता अशें स्पश्ट केलें.येता त्या रबी पिकाची अतिरिक्त गरज भागोवपा खातीर सारें अनुदान म्हणून 19,230 कोटी रुपया दितात अशें तांणी सांगलें. जम्मू-काश्मीराक तांच्यो उदरगतीच्यो गरजो भागोवपा खातीर केंद्रीय मजत म्हणून 5000 कोटी रुपयांची रक्कम दितात अशें तांणी सांगलें. काँग्रेस खासदार राजीव शुक्ला, तृणमूल काँग्रेसचे साकेत गोखले, भाजप खासदार हर्षवर्धन श्रृंगला आणि शिवसेना UBTचे संजय राऊत हांणीय ह्या विधेयकाचेर उलोवप केले.

Inter min –

बंदर, जहाज आनी उदकामार्ग मंत्रालयांतले खाशेले सचीव राजेश कुमार सिन्हा हांणी आखाती वाठारांतले सगळे भारतीय खलाशी आनी तारवां सुरक्षीत आसात अशें सांगलां. अस्तंत आशियांतल्या हालींच्या घडामोडीं संबंदी काल नवी दिल्लींत जाल्ले आंतर मंत्रालयीन पत्रकार परिशदेंत उलयतना सिन्हा हांणी ही म्हायती सांगली. फाटल्या 24 वरांत आखाती वाठारांतल्यान उपरांत 161 भारतीय खलाश्यांक परतून मायदेशात हाडल्यात अशें तांणी सांगले.

देशभरांत पेट्रोलियम आनी डिझेल पुरसेश्या प्रमाणांत उपलब्ध आसा अशें पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयाच्यो संयुक्त सचीव सुजाता शर्मा हांणी सांगलें. व्यावसायिक एलपीजी (LPG) गिरायकांनी 'पाइप्ड नॅचरल गॅस'कडे (PNG) वळचे, या खातीर तांका प्रोत्साहित करपाचे प्रयत्न सरकार करता अशे तांणी सांगले. जोड सचिवांनी असेही नमूद केले की, सरकारान सगळ्या राज्य सरकार आणि केंद्रशासित प्रदेशांक potra बरोवन अशी विनंती केल्या की, पाइपलाइन घालपाखातीर प्रलंबित आशिल्ल्या परवानग्यांक 'मान्यता प्राप्त' मानचे आणि नवीन अर्जांक २४ तासांच्या आत मंजुरी दिलीजा.

ब्रुसेल्स भेटी वेळार परराश्ट्र मंत्री सुब्रह्मण्यम जयशंकर हांणी युरोपीय संघाच्या वेगवेगळ्या देशांच्या परराश्ट्र मंत्र्यां कडेन संवसारीक आव्हानां विशीं भासाभास केली. अस्तंत आशियांतली परिस्थिती आनी ताचो उर्जा सुरक्षेचेर जावपी परिणाम हांचेर खासा लक्ष दिलें. परराष्ट्र मंत्रालयाचे म्हण्यारे रणधीर जयस्वाल यांनी एका पत्रकार परिषदेत ही माहिती दिली.

Shivraj –

पारदर्शकता, जापसालदारकी आनी शेतकारांच्या दाव्यांची वेळार फारीकणी सुनिश्चित करपा खातीर सरकारान प्रधानमंत्री फसल बीमा येवजणेंत दुरुस्ती केल्या. हाचे पयलीं शेतकारांक फारीकणी मेळोवपा खातीर जायते म्हयने वाट पळोवची पडटाली ashe लोकसभेंत काल पुरवणी प्रस्नांक जाप दितना शेती आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी सांगलें,.

Agri –

सरकारान शेतकी आनी शेतकार कल्याण खात्याचें अर्थसंकल्पीय वाटप 2013-14 वर्सा 21 हजार 933 कोटी आशिल्लें तें 2025-26 वर्सा 1 लाख 27 हजार 290 कोटी मेरेन वाडयलां. कृशी आनी शेतकार कल्याण राज्यमंत्री भागीरथ चौधरी हांणी काल लोकसभेंत एका लेखी जपेंत हि म्हायती दिली.

Goyal –

अस्तंत आशियांत तणाव चालू असून लेगीत भारतीय अर्थवेवस्था घटमूट स्थितींत आसा अशें वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी सांगलां.

WB TMC –

तृणमूल काँग्रेसीन 2026 वर्साचे अस्तंत बंगाल विधानसभेचे वेंचणुके खातीर उमेदवारांची वळेरी जाहीर केल्या, 294 मतदारसंघां पैकी 291 मतदारसंघांखातीर उमेदवारांची घोशणा केल्या. तीन दार्जिलिंग hill मतदारसंघ तांचो मित्रपक्ष भारतीय गोर्खा प्रजतांत्रिक मोर्चा (BGPM) खातीर सोडल्या. पक्षप्रमुख ममता बॅनर्जी ह्यो परत एक फावट भवानीपूर मतदारसंघातल्यान वेंचणूक ल्ड्यतल्यो, थंय भाजपान आधीच विरोधी पक्ष फुडारी शुभेंदू अधिकारी हांका उमेदवारी दिली.

तृणमूल काँग्रेसीन ७४ विद्यमान आमदारांक उमेदवारी दिवं ना. १३५ विद्यमान आमदारांक त्यांच्या सध्याच्या मतदारसंघांtlyan परत संधी दिल्या १५ जणांक नवीन मतदारसंघात हलव.

Kerala Congress –

केरळांत जावपी विधानसभा वेंचणुके खातीर काँग्रेस पक्षान 55 उमेदवारांची आपली पयली वळेरी जाहीर केल्या.

हे वळेरेंत विधानसभेंतलो विरोधी पक्ष फुडारी व्ही.डी. सतीशन, पक्षाचे आदले प्रदेशाध्यक्ष रमेश चेन्निथला आनी के. मुरलीधरन सारख्या मुखेल फुडरॅन्चो आस्पाव आसा. ह्या घोशणेत काँग्रेसीन राज्यांत वेंचणूक प्रचाराची तयारी सुरू केल्या.

आम आदमी पक्षान केरळांत जावपा आशिल्ल्या विधानसभा वेंचणुके खातीर 21 उमेदवारांचीय वळेरी जाहीर केल्या.

केरळांत विधानसभा वेंचणुके खातीर फुडल्या म्हयन्याच्या णव तारखेक मतदान जातले आनी मे म्हयन्यांत 4 तारखेक मतमेजणी जातली.

EC observers –

वेंचणूक आयोगान आसाम, केरळ, पुडुचेरी, तमिळनाडू आनी अस्तंत बंगाlatlya विधानसभा वेंचणुके खातीर आनी 6 राज्यांतल्या पोटवेंचणुके खातीर एक हजार एकशें 11 केंद्रीय निरीक्षकांची नियुक्ती केल्या. आयोगान दिलेल्या माहिती प्रमाण ह्या निरीक्षकामदि 557 सामान्य निरिक्षक, 188 पुलीस निरिक्षक आनी 366 खर्च निरिक्षकांचो आस्पाव आसा.

Iran –

अस्तंत आशियांतलो संघर्श आनीकूय खर जाला. इझ्राएलाच्या हल्ल्यांत इराणच्या राष्ट्रीय सुरक्षा मुखेली अली लारिजानी आनी बासीज दळाचो कमांडर गुलाम रजा सुलेमानी हांकां मरण आयिल्ल्याची पुष्टी इराणान केल्या.

इस्रायलांन एका हल्ल्यात–लारीजानी संयत –इराणच्या वरिष्ठ सुरक्षा अधिकाऱ्यांक मारिल्ल्याचो दावो केल्या उपरांत ही पुष्टी जाल्या.

वॉशिंग्टनात राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प यांनी होर्मुझ सामुद्रधुनीची सुरक्षा सुनिश्चित करपाखातीर आंतरराष्ट्रीय आघाडी स्थापन करपाचे आवाहन केला, थंय तेल वाहतूक मोठ्या प्रमाणार विस्कळीत जाल्या.

US –

अमेरिकेच्या राश्ट्रीय आतंकवाद विरोधी केंद्राचो मुखेली जो केंट हाणें अमेरिका आणि इस्रायलांन इरानाच्या आड सुरु केल्ल्या युद्धाच्या मुद्द्यावेल्यान आपल्या पदाचो राजीनामा दिला.अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांकां बरयल्ल्या पत्रांत तांणी म्हळां इराणपसून देशाक कसलोच तात्काळ धोको नाशिल्लो आणि इस्रायलच्या दबावाक लागून सरकारान हे युद्ध सुरू केले.

Amrit –

नवी दिल्लींतल्या राष्ट्रपती भवनांतल्या Amrit उद्यानाक काल 11 हजारां परस चड ज्येश्ठ नागरिकांनी भेट दिल्ल्याचें समाजीक न्याय आनी सशक्तीकरण मंत्रालयान सांगलां. ज्येश्ठ नागरिकांक बागेची सोबीतकाय अणभवपाची संद मेळची, तशेंच तांच्या समाजीक सहभाग आनी कल्याणाक प्रोत्साहन दिवप हो मंत्रालयान आयोजीत केल्ल्या ह्या खाशेल्या भेटीचो हेत आशिल्लो.

Imd –

India Meteorological Department (IMD) has issued an orange alert for for thunderstorm accompanied with hailstorm over Chhattisgarh, Himachal Pradesh and Vidarbha for today.

. The weather agency further predicted thunderstorms accompanied by lightning over Coastal Karnataka, Konkan, Goa, and Tamil Nadu, Puducherry, Karaikal and Rajasthan till tomorrow.

In Badminton, India’s Aakarshi Kashyap entered the women’s singles main draw at the Orleans Masters 2026 badminton tournament after winning both her qualifying matches yesterday.